पणजी प्रादेशिक बातमी

09.03.2025 ----------7.20 पी एम

मुख्यमंत्री

शेतकऱ्यांचे प्रश्न आनी समस्या लक्षात घेऊन आधुनिक तंत्रज्ञानाच्या आदारान खाण पिठातले उदक शेतीखातीर वापरप सुरुवात जाल्या. स्पिंकलर तशेंच हेर माध्यमांतल्यान स्वयंचलित पद्धतीन खाणपिठातले उदक शेतीखातीर उपलब्ध करून दिवपी देशातलो पहिलोच प्रकल्प आसा. साखळी मतदारसंघातल्या सुर्ला हांगासरलो हो प्रकल्प देशातल्या हेर राज्यांखातीर आदर्श ठरतलो. या प्रकल्पाच्या माध्यमातून शेतकामत्यांनी शेतीत आधुनिक तंत्रज्ञानाची साथ धरून पडीक आसलेल्या जमिनीची हरितक्रांती घोडोवपाचे बाबतीत विचार करपाची गरज असा अशे आवाहन मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं उक्तायलें. सुर्ला साखळी हांग सर जलसंपदा खात्याचे वतीन चार कोटी रुपया खर्च करून खानपिठातले उदक शेतीत पयलो स्वयंचलित पद्धतीचो प्रकल्प सुरू करून मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हांचे

हस्तुकीं उक्तावण जालें. हे वेळार मुख्यमंत्री वांगडा मुखेल अभियंते प्रमोद बदामी ,शैलेश पोकळे ,नरेश पोकळे, विनोद भंडारी ,किशोर भावे, कालिदास बर्वे ,सरपंच साहिमा गावडे, विश्रांती,सुर्लेकर भोला खोडगिणकर आनी फिनोलेक्स कंपनीचे अधिकारी तशेच शेतकामती हजर आसले .आपल्या उलोवपात मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत आणि मुखार सांगले की सुर्ला गावात देशातलो पयलॉ स्वयंचलित जलसिंचन प्रकल्प आसून ताचो योग्य पद्धतीन वापर करून शेतकामत्यानी शेती उत्पादनाच्या बाबतीत एक नवो आदर्श घडोवन हाडपाक जाय. गावातल्या सगळ्या शेतकामत्यानी हे येवजणेंचो लाभ घेवपाक जाय. मुखेल अभियंते प्रमोद बदामी हाणीं आधुनिक सिंचन योजना प्रकल्पाची म्हायती दिली. सरपंच व पंचायत मंडळ तशेंच ग्रामस्थांनी मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हांचे उपकार

मानले. बाबलो नाटेकर हाणीं कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन आनि उपकाराचे उलोवप केलें.

भलायकी मंत्री

वास्को - भलायकी आनी शांर उदरगतीच्या नदरेतल्यान मुरगांव मतदार संघ केन्नाच फाटी उरचो ना म्हणपाचें उतर भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हाणें दिला.

आमदार संकल्प आमोणकार हाणें आयज सकाळी मुरगांव मतदार संघान वैजकी शिबिर घडोवन हाडिल्लें. मुखेल सोयरे म्हूण मंत्री राणे  हाजी रावपाचे आसले पुण अचकीत काम आपिल्ल्यान ते हाजीर रावपाक शकले ना. मोबायला वरवी शिबीराचें उक्तावण करून हाजीर आशिल्ल्यां मुखार उलयताना मंत्री राणें हाणें म्हळा, की उदरगतीच्या मळार मुरगांव खुप फाटी आसा. मुरगांवच्या उदरगती खातीर आमदार आमोणकर करता ती तोखणाय करपा सारखी आसा. ताची मागणी विचारान घेवन सरकारान मुरगावान २० खाटीचें हॉस्पिटल तशेंच डायलीसीस सेंटर उबरपाक सरकारान मान्यताय दिल्ल्याचें जाहीर केला.

आमदार संकल्प आमोणकार तशेंच गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाचे डीन डॉ. शिवानंद बांदेकर हांचीय ह्यावेळार उलोपा जाली. सुमार ६०० जाणांनी ह्या शिबिराचो लाव घेतलो.

आध्यात्मीक क्रूज बोट

गोंयची पयली आध्यात्मीक क्रूज बोट १० मार्चाक मांडवी न्हयंत सूरू जातली.तपोभुमिच्या अध्यात्म महोत्सवा वेळार ह्या उदका सफरीचें उक्तावण जावन वेगवेगळ्यो आध्यात्मीक आनी मन रिजवणेच्यो कार्यावळी जातल्यो अशी म्हायती श्री क्षेत्र तपोभुमिच्या जाळवणदारांनी सांगलें.मांडवी न्हयंत पयली आध्यात्मीक क्रूज बोट भोंवडी बेगीनूच सूरू जातली आनी हें विशीं चो पायलट प्रकलप पर्यटन खात्याच्या जोडपालवान चालीक लागला.ही क्रूज पर्यटन बोट बेगीनूच अस्तित्वांत येतली आनी तपोभुमि अध्यात्म महोत्सवा वेळार पणजे हे बोटिचें उक्तावण जातलें.हे विशीं म्हायती दीतना

तपोभुमि अध्यात्म महोत्सवाचे प्रचार मुखेली फोंडू आश्वेकार हाणी सांगलें गोंय भर तांचो अध्यात्म महोत्सव सुरू जाला आनी तांचोच एक वांटो म्हण गोंय दर्या सफर ही अध्यात्मीक क्रूज बोट भोंवडी सूरु जातली.

हे बोटिचें फाल्यां १० मार्चाक सांजे ४.३० वरांचेर मांडवी जेटिचेर उक्तावण जातलें.हे बोटिचेर खेळा आनी मन रीजवणेच्यो कार्यावळी,संगीत सुधा,भोवशीक हनूमान चालिसा पठण आनी संत उदबोधन सारकिल्ल्या कार्यावळींची उपस्थितांक मेजवानी दितले अशें आश्वेकार हाणी सांगलें.

राज्यात शिगमोत्सवाक सुरवात

चवथ, दिवाळी, होळी ह्यो परबो गोंयच्या सगळ्या परबां मदले एक. होळी आयतारा, १४ मार्चाक जरी आसली तरी बारा म्हालांनी विवीध सुवातांचेर शिमग्याक ८ मार्च सावन सुरवात जाल्या.  काल सावयवेऱ्यां मांडावेले देवतेक गाराणें घालून आनी नमन करून परंपरीक शिगम्याक सुरुवात जाली. साळांतले गडे, ठाणेंची घोडेमोडणी, झर्म्याचो चोरोत्सव, मळकर्णेचो शेणी ऊजो, सांगेचो वीरभद्र

हे गोंयच्या शिगम्याचे फामाद उत्सव. गडे, घोडेमोडणी आनी चोरोत्सव येवपी कांय दिसांनी सुरू जातले. पिळगांवचे गडे ११ मार्च, जाल्यार साळ गडे १५, १६ आनी १७ तारखेर जातले.दर वर्सा प्रमाण अंदूय पर्यटन खात्यान शिगमोत्सवाच्यो तारखो जाहीर केल्यात. अंदू गोंयांत १५ मार्च सावन शिगमोत्सवाक सुरवात जातली.  पणजे सयत सगळ्या शारांनी चित्ररथ मिरवणुको जातल्यो.

राजभास संचालनालय

गोंय सरकाराचें राजभास संचालनालय आनी गोंय कोंकणी अकादेमीन फाल्या 'कविता उत्सव ' कार्यावळ आयोजित केल्या. ज्ञानपीठकार रविंद्र केळेकार आनी डॉ. मनोहरराय सरदेसाय हांच्या जल्मशती वर्सा निमतानची ही खाशेली कार्यावळ केरी- सत्तरीच्या विवेकानंद ज्ञानमंदीर हायस्कुल सभाघरांत जातली. कार्यावळीचे मुखेल सोयरे म्हूण ठाणे सरकारी माध्यमिक शाळेचे प्राचार्य काशीनाथ नायक हाजीर आसतले. कोंकणी अकादेमीचे प्रभारी अध्यक्ष वसंत भगवंत सावंत, गोंय कोंकणी अकादेमीचे कार्यकारी वांगडी गोपीनाथ गावस, विवेकानंद शिक्षण संस्था अध्यक्ष नामदेव अर्जुन गावस मानाचे सोयरे म्हूण हाजीर आसतले. ह्या कविता महोत्सवांत शाळेचे विद्यार्थी डॉ. मनोहर राय सरदेसाय हांच्या कवितांचें सादरीकरण करतले. तशेंच कांय आमंत्रित कवी आपल्यो कविता सादर करतले. रवींद्र केळेकाराचें साहित्यीक योगदान तशेंच ताच्या जिविताचेर आदारिल्लें टेलीफिल्म लेगीत विद्यार्थ्यांक दाखयतले.

तापमान

फेब्रुवारी च्या नीमणे सप्तकासावन गोयांत तापमान वाडत आसा.मार्च म्हयन्यांथले पयले धा दीस तापमानांत वाड चालूच आसा.८ तें १० मार्च ह्या दिसांनी गोयांतलें हवामान उश्ण आनी दमट आसतलें,असो अदमास हवामान खात्यान परगटायला.ते प्रमाण ह्या तीन दिसां खातिर यलो एलर्ट जारी

केला.हाकाच लागून मार्च म्हयन्याच्या पयल्या धा दिसा खातीर उश्णतायेचो यलो एलर्ट जारी केला.हवामान खात्यान जाहीर केल्ल्या प्रमाण मार्च ते मे म्हयन्यांत चडांत चड तापमान सरासरीपरस चड आसपाची शक्यताय आसा.फुडले अशेंच म्हयने अशींच वा ताचे परस चड उश्णतायेक फूडो करचे पडटलो असो अदमास आसा.फुडले सांत दीस गोंयांत चडांत चड तापमान ३५ तें ३७ आंव सेल्सियस मदीं उरपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

मजगतीं राज्यांत वाडत आशिल्ल्या तापमानाक लागून भलायकी खात्यान जतनाय घेवपाचो सल्लो दिला.ते प्रमाण दनपरां १२ तें ३ वरां मजगतीं घरांतल्यान भायर सरपाचें टाळचें,उदक पियेवचें,भायर सरतना सुती कपडे घालचे,वतांत वतना तकली धांपची,अस्वस्थ जाणवल्यार दोतोराकडेन वचप तशेंच हें वेळार वा ह्या दिसांनी सोरो,च्या,कोफी,पियेवप टाळचें.

खाजन जमनीची राखण

राज्यांतल्या खाजन जमनीची राखण आनी संवर्धन हो प्रस्न राज्य सरकारान गंभीरतायेन घेतला.हे संबंदी कायदे सरकार करतलें अशे पर्यावरण मंत्री आलेक्स सिक्वेरा हाणी स्पश्ट केलें.खाजन जमनीची राखण आनी संवर्धन करपाविशीं सरकारी कर्मचार्याखातीर पणजेंत घडोवन हाड्ल्या कार्यशाळे वेळार पत्रकारा वांगडा तें उलयताले.